**13.02.2025 @ 7.25 am**

**आकाशवाणी पणजी**

**प्रादेशिक खबरा**

Jitin 115

12 लाख रुपया करमुक्त उत्पन्नाचो इतिहासीक निर्णय आकांक्षी भारताची खर्च क्षमता वाडयतलो. अंदूंचो अर्थसंकल्प प्रधानमंत्र्यांच्या सुदारणा, कामगिरी आनी परिवर्तन ह्या मंत्राचेर आदारीत आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितिन प्रसाद हांणी गोंयांत उलयताना सांगलें. केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025 वेल्या संवाद कार्यावळींत ते उलयताले. 12 लाख रुपया मेरेन उत्पन्न करमुक्त करपाचो इतिहासीक निर्णय आकांक्षी भारताक खर्च करपाची शक्त दिवन भारतीय अर्थवेवस्थेक चालना दितलो अशें मंत्र्यांन फुडें सांगलें. ह्या निर्णयाक लागून 8 कोटी करदात्यां मदल्या 7 कोटी करदात्यांक व्हड फायदो जातलो अशें प्रसाद हांणी सांगलें. कोवीड, आंतरराश्ट्रीय संघर्श आनी हवामान बदल अशा तिनूय आव्हानां कडेन देश येसस्वीपणान झुजलां अशें मंत्र्यांन सांगलें. ह्या वेळार मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आनी भाजपा राज्य अध्यक्ष हाजीर आशिल्ले.

मुखेलमंत्री: 160

भौशिक बांधकाम खात्यात आसपाव आशील्लो पिवपाच्या उदकाचो विभाग खूरीत काडुन पिवपाच्या उदकाचो स्वतंत्र विभाग सरकार चालीक लायतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केल्या. ते पर्वरे NH 66 रस्त्याचे उक्तावण तशेंच 1000 cubic meter उदकाच्या पम्पांचे बांधकामाचो बुनयादी फातर बसवपाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. सरकार उदकाचेर प्रक्रीया करपाक 20 रुपया प्रती cubic meter खर्च करता,मात गोंयकारांक 3 रूपया प्रती cubic meter ह्या दरान दीता.ताका लागुन सरकाराक 17 रूपयाचे एका cubic meter चे लुकसाण जाता.ते खातीर लोकांनी उदकाची नाशाडी करची न्ही अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान लोकांक केला.गोयांतल्या 40% नागरीकांक फुकट उदकाच्या येवजणेचो लाव मेळटा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. प्रत्येक घराब्याक 4 वरा उदक दीवपाची तजवीज सरकारान केल्या.तशेंच फुडल्या 25 वर्साची उदकाची गरज लक्षात दवरून उदकाची साठवणुक करपाक साधन सुविधा उबारप सुरू आशिल्याची म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. ह्यावेळार पर्वरेचो आमदार तशेंच पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी आदल्यो उपयोगाविणेच्यो

बांय उदकाची साठवणुक करपाक वापरतले अशी म्हायती दील्या.हे शिवाय सध्या पर्वरे 8-9 जमनीपोंदा तशेच वयर उदकाच्यो टाकयो बांदपाचे काम सुरू आशील्याची म्हायती खंवटे हांणी दील्या.

कोयराची समस्या : 160

राज्यांतली कोयराची समस्या सोडोवपा खातीर पंचायत मंडळांनी अदीक सक्रिय जावपाची गरज आसा. पंचायत मंडळांनी गांवच्या लोकांच्या सहकार्यान आपल्या वाठारांतल्या कोयराचो प्रस्न सोडोवपाक आवश्यक उपाय करपाक जाय, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज मये मतदारसंघात पाच म्हत्वाच्या प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर बसयले उपरांत उलयतना सांगलें.योग्य आनी नियोजीत पद्दतीन कोयराचो व्हिलो लावन गांवचो वाठार नितळ आनी हरीत दवरून निरोगी पर्यावरण राखपा खातीर गांवच्या लोकांनीय हातभार लावपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. कृशी धोरणाचो  उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यान सरकार शेतकारांच्या कल्याणा खातीर काम करता अशें सांगून शेतकारांनी कृशी लागवड वाडोवपाचो उलो मारलो. सरकार शेतकारांच्या फायद्या खातीर अनेक अनुदान येवजण्यांची अंमलबजावणी करता, तशेंच सेंद्रीय कृशी लागवडीक प्रोत्साहन दिता, अशें सांगलें.मुख्यमंत्र्यान आयज मये  आनी मावळींगे-कुडचीरे वाठारांत भुंयगत वीज केबल घालपाच्या कामाची सुरवात केली. तशेंच मये हांगा तळ्याची सुदारणा, वायंगिणी मये हांगा खाजन बांद आनी मानशेच्या गेटीची दुरूस्ती आनी श्री विठ्ठल मंदीराच्या सुशोभिकरण कामाची सुरवात केली.मये मतदारसंघाचें आमदार  प्रेमेंद्र शेट हांणी सरकार शेतकारांच्या कल्याणा खातीर अनेक येवजण्यांची अंमलबजावणी करता अशें सांगून शेतकारांनी अशां येवजण्यांचो लाव घेवन आपली शेत जमीन लागवडी खाला हाडपाचो उलो मारलो.

DIP 100

एंड्युरो स्पोर्टस आस्थापनान मिरामार ते करंझाळें दर्या वाठारांत 21 फेब्रुवारीक सकाळी 7.00 ते दनपारां 2.00 वरा मेरेन, 22 फेब्रुवारीक सकाळी 7.00 ते दनपारां 12.00 वरा मेरेन आनी  23 फेब्रुवारीक सकाळी 7.00 ते 10.00 वरा मेरेन अक्वामोगा 2025 ह्या उदका खेळ एंड्युरन्स सर्तीचें आयोजन केला. ते खातीर मांडवी न्हंयेतल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी सर्तीक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हूण ह्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार

सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें सांजेच्या ७. २० मिनिटांचेर नमस्कार

----------------